## स्विंडन कॅरर्स सेंटर विशीं कॅरर्स किर्ते म्हणटात

“स्विंडन कॅरर्स सेंटरान म्हजे खातीर जें सगलें केलां ताचे खातीर हांव तांचे फावोशे उपकार लेगीत मानूंक शकना.”




“स्विंडन कॅरर्स सेंटर तुमकां किर्ते कर तें सांगना – तें तुमकां कसले पर्याय आसात तें सांगता. हांव आतां लिपून रावपाचो यत्न करीना, कारण यससीसीन म्हाका आत्मविस्वास दिला.”

**स्विंडन कॅरर्स सेंटर आनी आमी पुरयतात त्या सेवें विशीं अदीक म्हायती खातीर: www.swindoncarers.org.uk**

**स्विंडन कॅरर्स सेंटर स्विंडनातल्या सगल्या पिरायेच्या कॅरर्सांक म्हायती आनी आदार दिता.**

**नोंदणी प्रक्रिया सुरू करूंक उपकार करून आमकां संपर्क करात.**

**आमी ह्या वरां मजगती उकते आसतात:**
**सोमार ते बिरेस्तार सकाळीं 9.30 ते सांजे 4.30**
**शुक्रारा सकाळी 9.30 ते सांजे 4**



**स्विंडन कॅरर्स सेंटर**
**सॅनफोर्ड हावस, सॅनफोर्ड रस्तो,**
**स्विंडन, यसयन 1यचइ**
टेलीफोन: 01793 531133
info@swindoncarers.org.uk
www.swindoncarers.org.uk

A Network Partner of CARERS TRUST

SWINDON Carers Centre

TRUSTED CHARITY MARK LEVEL 2 NCVO

चॅरीटी क्र. 1061116
कंपनी क्र. 3305621

# स्विंडन कॅरर्स सेंटर

SWINDON
Carers Centre



**जर तुमी एक इश्ट वा कुटूंबाच्या वांगड्याचो सांबाळ करतात आनी तुमकां अतिरिक्त आदार जाय, जाल्यार तुमकां मजत करूंक आमी आसात**

# तुमी कॅरर आसात?

जर तुमी एक दुयेंती, दुबळो वा कुटूंबाचो अपंगुळ वांगडी, भागेली वा इश्टाचो सांबाळ करतात, जाल्यार तुमी एक कॅरर आसात. तुमी सांबाळ करतात तो मनीस जाण्टो, शारीरिक वा मानसीक आरोग्याची स्थिती आशिल्लो, शिकपाचें दुबळेंपण वा घुंवळी वखदां वा सोऱ्याची संवय लागिल्लो (निदान जाल्लो वा निदान जावंक नाशिल्लो) आसूं येता.

लोक चडशे करून स्वताक कॅरर म्हणून पळयनात, आनी देखून तांचे भूमिकेक मजत करपी वेगवेगळे हक्क, फायदे आनी आदार हांचे विशीं तांका खबर आसना.



# आमचे विशीं

स्विंडन कॅरर्स सेंटर (SCC) ही एक स्वतंत्र धर्मार्थ संस्था जी स्विंडनातल्या कॅरर्सांक आदार करूंक आनी मजत दिवंक स्थापन केल्या. आमी कॅरर्स ट्रस्टाचे नॅटवर्क भागेली.

आमचे कडेन प्रशिक्षीत कर्मचारी आनी आपवावुरप्यांची टीम आसा जी व्यापक आदार आनी सेवा दिता.

# आमचें मिशन:

***स्विंडन आनी भोंवतणच्या लोकांची खुशालकाय जतनायेच्या जापसालदारकीं वरवीं सुदारप, कॅरर्सांची नोंद घेवपी, तांची कदर करपी आनी तांका आदार दिवपी समाज घडोवप.***

**स्विंडन कॅरर्स सेंटर कशें मजत करूंक शकता?**

तुमची कॅररची भूमिका चड बरी वेवस्थापन करपी जातली हाचे खातीर आदार सोदूंक तुमचे वांगडा मेळून काम करपाची मोख आमी दवरतात.

स्विंडन कॅरर्स सेंटर 18 वर्सां सकयले तरणाटे कॅरर्स, 16-24 वर्सां पिरायेच तरणाटे जाण्टे कॅरर्स, 18 वर्सां पिराये सकयल्यांचो सांबाळ करतात अशे पालक कॅरर्स, 18-64 पिराये मजगतींचे जाण्टे कॅरर्स, मिलिटरी कॅरर्स, यलजीबीटी कॅरर्स आनी 65 वर्सां पिरायेंतले म्हातारे कॅरर्स हांचे सयत सगल्या कॅरर्सांक व्यापक आदार आनी सेवा दिता.

आमी वेगवेगळ्या मार्गांनी मजत करूंक शकतात:

- **म्हायती दिवप**
- **संबंदीत हेर संघटनांक सायन पोस्ट**
- **वन-टू-वन आदार दिवप, सेवा मेळोवंक आदार दिवप हाचे सयत**
- **कल्याणा खातीर आनी फायद्यां खातीर सल्लो दिवप**
- **ब्रेक आनी पूरक थेरपी मेळोवप**
- **प्रशिक्षण सत्रां आनी आपमजत गट**
- **आपात्काळ कार्ड येवजण**

**01793 531133**
**info@swindoncarers.org.uk**

# यससीसी वांगडा नोंदणी

जर तुमी एक कॅरर म्हणून स्विंडन कॅरर्स सेंटरा कडेन नोंदणी करूंक सोदतात, जाल्यार उपकार करून टेलीफोन वा ईमेल वरवीं आमकां संपर्क करात वा आमचे वॅबसायटीक भेट दियात आनी नोंदणी पत्रक भरात.

टेलीफोन: 01793 531133

ईमेल: info@swindoncarers.org.uk

वॅबसायट: www.swindoncarers.org.uk

डेन्ना तुमी आमकां पयलेच फावट संपर्क करतात, तेन्ना तुमचे आदराक येवंक आमी सगल्यांत योग्य आसात हाची खात्री करपा खातीर आमी एका नोंदणी प्रक्रियेंतल्यान वतात.

आमचे कडेन सगल्या कॅरर्सांक आदार दिवंक समर्पित अणभवी वेवसायीकांची टीम आसा.



आमकां Facebook चेर लायक करात
@swindoncarerscentre

आमकां Twitter चेर फोलो करात
@SwindonCarers

**उपकार करून नोंद घेवंची की आमचे सेवेंक खूबूच चड मागणी आशिल्ल्यान कांय वेळार आमी तुमकां मजत दिवपा शकचे खातीर कांय सप्तकांचो वेळ लागूंक शकता**